**21** April **2026** **6.30**pm

**नागरी सेवा दिसा**

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हाणी म्हटला कि सरकाराच्यो येवजण्यो आनी धोरणां तळागाळामरेन चालीक लावपाच्या प्रक्रियेन नागरी सेवांचो मुखेल वांटो आसा . आयज नवी दिल्लींत नागरी सेवा दिसानिमतांत आयोजित कार्यावलीन ते उलयताले. राजधानी दिल्लींत येवजण्यो करूं येतात, पूण पयसुल्ल्या गांवांनी फळादीक परिणाम दिसून येतात ,जेन्न त्यो येवजण्यो खऱ्या अर्थान चालीक लायतात. सरदार वल्लभाई पटेल हांका अखिल भारतीय सेवांचो जनक म्हणत उपराष्ट्रपतीनी सांगलें, कि सरदार पटेल हाणी सेवा आणि एकचाराच्या भावनेन देशाक एकठांय हाडलो .

**संरक्षण मंत्री**

तीन दिसांच्या जर्मन भोवडेर आशील्ले संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज दनपारां बर्लिनाक पावले.. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री सिंग हाणी म्हटला की म्यूनिक सावन बर्लिनाक वचपाच्या वेळार तांकां जर्मन वायुसेनेच्या खाशेल्या विमानांतल्यान सेवा मेळली . बर्लिनांत पावतकच तानचो लश्करी भोवमान केलो.ताचे आदीं आयज श्री सिंग जर्मनींतल्या म्युनिक शारांत पावले. ह्या भेटी वेळार तानी आपल्या जर्मन समकक्ष, बोरिस पिस्टोरियस आनी हेर वरिश्ठ फुडाऱ्यां कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करून दोनूय देशां मदली रणनिती संरक्षण भागीदारी आनीक घटमूट करपाचेर भासाभास केली.

**आदि शंकराचार्य**

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी आज भारताचे महान आध्यात्मिक गुरु आदि शंकराचार्य हाका ताच्या जयंती निमतान आदरांजली ओपल्या.. आदि शंकराचार्य हाणी समाजीक सलोखो घटमूट करपा खातीर देशभरांत संस्था उबारल्यो आनी आयज लेगीत पिळग्यांक मार्गदर्शन करतात अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी म्हटला..

पी.एल.आयअन्न प्रक्रिया उद्योगा खातीरची उत्पादन-संलग्न उर्बा म्हटल्यार पी.एल.आय येवजण ही भारतातली अन्न प्रक्रिया वाठाराच्या उदर्गतीचो एक मुखेल चालक म्हणून उदेला .. वाढलेल्या विक्रक उर्बा जोडून, ह्या योवजणेन गुंतवणुकिक

चालना दिल्या., उत्पादनाची ताक वाढयल्या आणि भारतीय अन्न उत्पादनांची जागा संसारीक  पावडयार घटमुट केल्या. . मूल्यवर्धन, सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योगांचो सहभाग आणि बाजरी-आधारित उत्पादनांचेर  भर दिल्यान  सर्वसमावेशक विकासाक हातभार लागला .

**<u>एलपीजी</u>**

देशभरांतली घरगुती एलपीजी पुरवण सुरळीत  आसा आनी देशभरांतल्या खंयच्याच एलपीजी वितरकाकडे  पुरवठो खंडित झाल्याची  म्हायती मेळूंक ना अशें सरकारान सांगलें. मंगळारा नवी दिल्लींत अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं आंतर मंत्रालयीन म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांतली संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें, आंतरराष्ट्रीय बाजारांत कच्च्या तेल आनी एलपीजीचे दर वाडले तरी सरकारान, एलपीजीची घरगुती पुरवण कसलोच खंड पडनासतना सुनिश्चीत करपाचो यत्न केला

**<u>वैजकीय मजत</u>**

भारतान टांझानियातल्या  दार एस सलाम हागाच्या  श्री हिंदू मंडळ रुग्णालयाक  दोन टन जीवनावश्यक वैजकीय साहित्य पावायला. जाका लागून  उदेंत आफ्रिकेंतल्या देशावांगडा भालायकीसेवा सहकार्य अधिक घट  करपाची  भारताची मानवतावादी मजत आणि वचनबद्धता अधिक घटमुट जाल्या.

**<u>एपिग्राफीचो अहवाल</u>**

संस्कृती मंत्रालयाचे सचीव विवेक अग्रवाल हांणी ग्रेटर नोयडा हांगा 2024-25 वर्साचो भारतीय एपिग्राफीचो  म्हल्यार पुरालेखान्चो  अभ्यास करपी शाश्त्राचो  वर्सुकी अहवाल जाहीर केलो. मंगळारा सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत संस्कृताय मंत्रालयान सांगलां की, ह्या अहवालांत देशभरांतल्या एपिग्राफिक वावराचो  व्यापक नियाळ दिला. ह्या कामांत शिलालेख सोदून काडप, दस्तावेजीकरण करप, व्याख्या करप, तिगोवन दवरप हांचो आस्पाव आसा अशें मंत्रालयान सांगलें.

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागावरवी कोंकणी वृत्तनीवेदक घेवपाचे आसात .ते खातीर पात्र उमेदवारा कडल्यान अर्ज मागयल्यात.
उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचे आसा. पिराय २१ ते 50 वर्सा आसुंक जाय. ह्य्र पदाखातीर १७ मे २०२६ मरेन अर्ज करपा मेळटले . अधिक म्हयतीखातीर आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा कडेन संपर्क कारचो.

<u>खेळ</u>

आय पी एल क्रिकेट सर्तींत आयज हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर ,सन रायजर्स हैदराबाद आनी दिल्ली कॅपिटल्स ह्या पंगडा मधी खेळ जातलो.. हो खेळ सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरु जातलो .